## व्ही.एम.साळगावकर कायदो म्हाविद्यालय प्रस्नमंजुशा सर्तींत जैतवंत

ता. 17 ऑगस्ट 2022

आझादी का अमृत महोत्सवाचो एक भाग म्हूण माहिती आनी प्रसिद्धी खात्यान 'भारत-1947 ते आतामेरेन' ह्या विशयाचेर आयोजित आंतर म्हाविद्यालयीन राज्य पावंड्यावयल्या प्रस्नमंजुशा सर्तींत व्ही.एम.साळगावकर कायदो म्हाविद्यालयाच्या सचीन पाणीकर आनी कु समृद्धी राऊत हांका पयले इनाम फावो जाले. सर्तीचे दुसरे इनाम गोंय वैजकी म्हाविद्यालय, बांबोळी आनी तीसरे इनाम डी सी टी एस धेंपे कला आनी विज्ञान म्हाविद्यालयाच्या पंगडाक फावो जाले. सेंट झेवियर कॉलेज, म्हापसा आनी गोंय अभियांत्रिकी म्हाविद्यालय, फार्मागुडी हांका अनुक्रमे चौथे आनी पाचवे इनाम फावो जाले.

उपरांत पणजे मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत जाल्ल्या इनामां वाटपाच्या कार्यक्रमात उलयतना माहिती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक हांणी सर्तीच्या जैतवंत पंगडांचे अभिनंदन केले. माहिती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन नेमान प्रस्नमंजुशा सर्त, पथनाट्य आनी हेर विंगड विंगड विशयांचेर सर्ती आनी कार्यक्रमाचे आयोजन करून सरकाराच्या कल्याणकारी येवजणांविशीं लोकांमदी जागृताय करपात येता, अशें श्री. प्रकाश नाईक हांणी सांगलें.

श्री. नाईक हांणी फुडें म्हणले, खात्यान आतामेरेन आयोजीत केल्ल्या प्रस्नमंजुशा सर्तींक बरो प्रतिसाद मेळत आयिल्लो आसा. अशां सर्तींच्या माचयेवयल्यान विद्यार्थ्यांक आपले कलागुण दाखोवपाची संद मेळटा. भारत स्वातंत्र्याच्या 75 वर्सा निमतान 'भारत-1947 ते आतामेरेन' ह्या विशयाचेर आयोजित आंतर म्हाविद्यालयीन राज्य पावंड्यावयल्या प्रस्नमंजुशा सर्तीकय राज्यांतल्या म्हाविद्यालया कडल्यान बरो प्रतिसाद मेळ्ळो, अशें तांणीसांगलें.

भारत सरकाराच्या सांस्कृतिक मंत्रालयाच्या 'हर घर तिरंगा' मोहिमेचो उल्लेख करून लोकांमदी देशभक्तीची भावना जागृत करप आनी तांकां आपल्या

देशाप्रतीच्या बांधिलकीची जाणीव करून दिवप हो ह्या मोहिमेचो उद्देश आशिल्ल्याचे तांणी सांगलें.

श्री. नागेश सरदेसाय हे सर्तीचे क्विझमास्टर आशिल्लें. सुरवातीक सहाय्यक माहिती अधिकारी श्याम गावकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो आनी उपरांत उपकार मानले. माहिती सहाय्यक कु. रंजना मळीक हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/475

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji